# नवी दिल्लीत मुख्य वेंचणूक अधिकाऱ्यांची परिशद जाली

ता. 9 जानेवारी 2026

नवी दिल्लीत भारत मंडपात 21 ते 23 जानेवारी मजगती आयोजीत आंतरराष्ट्रीय लोकशाय आनी वेंचणूक वेवस्थापना वयल्या भारतीय आंतरराष्ट्रीय परिशदेच्या फांटभूंयेर काल नवी दिल्लीत भारतीय वेंचणूक आयोगान मुख्य वेंचणूक अधिकाऱ्यांची परिशद आयोजीत केल्ली.

भारतीय वेंचणूक आयोगाचे मुख्य वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार, वेंचणूक आयुक्त डॉ. सुखबीर सिंग संधू आनी डॉ. विवेक जोशी हांणी परिशदेत मुख्य वेंचणूक अधिकाऱ्यांक आंतरराष्ट्रीय परिशदेच्या विशयांचेर मार्गदर्शन केले. परिशदेत वेंचणूक वेवस्थापन आनी तंत्रज्ञानाच्या विवीध विशयांचेर चर्चा जाली.

वेंचणूक वेवस्थापन आनी लोकशाय क्षेत्रात भारतान आयोजीत केल्ली ही व्हडली जागतिक परिशद आसा. जगभरात वेंचणूक वेवस्थापन संस्थांचे प्रतिनिधीत्व करपी आंतरराष्ट्रीय प्रतिनिधी सयत आंतरराष्ट्रीय संघटना, भारतातल्यो विदेशी संस्थांचे प्रतिनिधी आनी वेंचणूक क्षेत्रांतले तंज्ञ मेळून लागी लागी 100 प्रतिनिधी परिशदेत सहभागी जातले.

परिशदेत उक्तावण सत्र, वेंचणूक वेवस्थापन संस्थाच्या कार्यकारी गटांची बसका, जागतिक वेंचणूक विशयांचेर चर्चासत्र, मॉडेल इंटरनॅशनल इलेक्ट्रोरल स्टॅण्डर्ड आनी उत्कृश्ट कार्यपद्दतीचेर आनी वेंचणूक प्रक्रियेचेर चर्चा सत्र जातले.

परिशदेत आयआयटी, आयआयएम, एनएलयू, आयआयएमसी संस्थांच्या प्रतिनिधी सयत राज्य आनी संधप्रदेशांचे मुख्य वेंचणूक अधिकारी सहभागी जातले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/39

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.